# Konkani Viswakosh Vol3.pdf/666



Exported from Wikisource on October 24, 2024

This page has not been proofread.

न्यायमालाविस्तर,वैयासिक न्यायमालाविस्तार , जीवन्मुक्तिविवेक , विवरण प्रमेयसंग्रह आनी पंचदशी.

माधवाचार्याचो सर्वदर्शनसंग्रह हो नामनेचो ग्रंथ आसून ताका भारतीय तत्वज्ञानांचो वा दर्शनाचो कोश असो मानला. ह्या ग्रंथांत आस्तिक आनी नास्तिक अशा 16 तत्वदर्शनांची थोडे भितर विस्कटावणी केल्या.

माधवाचार्याविशीं सर्वज्ञः स हि माधवः अशी उक्ती आसा. पूण तो फक्त विधेंतूच पारंगत आशिल्लो अशें न्हय, तर ताचें आचरणूय शुध्द आनी निर्मळ आशिल्लें. पिरायेच्या निमाणच्या कालखंडांत विधारण्य म्हूण शृंगेरी हांगाच्या शांकर मठाच्या पिठाचेर आचार्य म्हूण अधिश्ठित जालो.

-कों.वि.सं.मं.

**माधुकरीः** आदल्या काळांतली अन्नपुरवण्ची वेवस्था. घरापसून पयस आशिल्ले वा घरची परिस्थिती गरीब आशिल्ले विधार्थी आदल्या तेंपार सधन मनशाच्या घराकडेन वचून अन्न मागताले आनी आपली उपजिविका चलयताले. गरीब तशेच गरजू विधार्थ्यांक शिक्षणाचो लाव मेळचो ही भावना माधुकरी फाटल्यान आसली. म्हणून माधुकरी मागप उणेपणाचें समजप जायनासलें आनी माधुकरी दिवप हें पुण्यकर्म मानप जातालें.

जेवणाच्या वेळार दारांत उबो रावन ॐ भवती भिक्षा देही वा ॐ भवान भिक्षा ददातू असो माधुकरीन साद घलो म्हण्टकच घरची बायल वा दादलो माधुकरी मागतल्याच्या आयदनांत घरांत शिजयल्ल्या अन्नाचो वांटो घालतालीं.

हेच पद्दतीखाला शिजयल्ल्या अन्नाखातीर वार लावपाची पद्दतय तालंत आशिल्ली. वार लावप म्हळ्यार थरावीक वारा (दिसा), थरावीक घरांत अन्न

घेवप. हाचेच जोडयेक कांय गिरेस्त घराण्यांनी सदची जेवणावळ आसताली आनी थंय गरजू लोकांकातीर अन्नदान जातालें. आयज कांय कडेन ही पद्दत आसा.

माधुकरी मागून शिकिल्ल्यांमदी भारतांत खूब विद्दान मुखार आयल्यात. गरजेवेळार तांची जेवणाची आयती सोय जाल्ल्यान ते आपलें शिक्षण पुराय करूंक शकले हें माधुकरीचें एक व्हड समाजीक योगदान आसा.

-कों.वि.सं.मं.

**माध्व संप्रदायः** मध्वाचार्यान (सु.1199-सु.1278) स्थापन केल्लो एक भक्तीमार्गी वैशणव संप्रदाय. हो भक्तीमार्ग विष्णुन ब्रह्मयाक सांगलो आनी ताणें वायूच्या पालवान ताचो प्रचार केलो, अशी कथा आशिल्ल्यान ह्या संप्रदायाक ब्रह्म संप्रदाय अशेंय म्हण्टात. शंकराचार्यान सांगिल्ल्या मायावादाचें आनी अद्वैताचें खंडन करून मध्यवाचार्यान द्वैतनताचो पुरस्कार केल्लो आशिल्ल्यान हो संप्रदाय द्वैती आसा . ह्या द्वैत मताक स्वतंत्रास्वतंत्रवाद अशेंय म्हणटात.

प्रत्यक्ष, अनुमान आनी श्‌रुती (वेद) हीं ज्ञानाचीं तीन प्रमामां आसून ह्या तीनूय प्रमाणांनी भेद सिध्द करू येता, वेद अपौरुषेय आसात, तांकां स्वताप्रामाण्य आसा, जग सत्य आसा, ईश्वर हो जगाचें फक्त निमित्तकारण आसा, फक्त विष्णुचे उपासनेनूच मोक्ष मेळूं येता,लक्ष्मी, श्‌रीवत्स आनी जग निर्माण करपाची शक्ती हीं तीन वैभवां जीवाक केन्नाच मेळनात, सगळ्या दुख्खांचो नाश जावन विष्णुच्या सांगातान रावप होच मोक्ष आसा, ह्या सिध्दांतांचेर हो संप्रदाय आदारिल्लो आसा.

ह्या संप्रदायांत ईश्वराची उपासना अंकन, नामकरण आनी भजन अशी त्रिविध मानल्या. विष्णुच्या रुपाचें स्मरण जावंचें आनी मोक्षप्राप्ती मेळची म्हूण आपल्या शरिराचेर विष्णुच्या आयुधांचीं चिन्नां वा मुद्रा अंकित करप,

हें अंकन जावन आसा. हे अंकन गोपीचंदनाच्या गंधान करतात. तशेंच तापयल्ले मुद्रेच्या स्वरुपांतूय करतात. मठांत गेल्यार गुरूकडल्यान ही मुद्रा घेतात. उजव्या दंडाचेर सुदर्शनचक्र आनी दाव्या हाताचेर शंख अंकित करतात. सदांच नामस्मरण घडचें , ह्या हेतून भुर्ग्यांक केशव आदी विष्णुचीं नांवां दवरतात.

संप्रदायाचे अनुयायी शाळीग्रामाच्या रुपान विष्णुची पुजा करतात. गळ्यांत तुळशीच्यो माळो घालतात. कपलाचेर गोपीचंदनाच्यो दोन उब्यो वळी, तांचे मदीं उबी काळी वळ आनी तिचे मदेगाक हळदीचो बिंदू अशी मुद्रा घेतात. गुरूविशीं उपाट आदार ाशिल्ल्यान चातें यादस्तीक म्हूण वृंदावन बांदतात. आनी ताची पुजा करतात. हे लोक व्हड प्रमाणात उपास करतात. पूण वैशणव व्रतांखेरीज हेर व्रतां मान्य नाशिल्ल्यान महाशिवरात्रेक उपास करीनासतनाच पुरणपोळयेचें जेवण करतात.

कर्नाटकांतल्या उडुपीलागसारचें पाजकक्षेत्र ही मध्वाचार्याची जल्मसुवात आसा. तशेंच ताणें उडुपींत श्रीकृष्णाचे मूर्तीची प्रतिश्ठापना केल्ली. ताका लागून उडुपी आनी ह्या गांवचो वाठार हें सांप्रदायिकांचे नदरेन म्हत्वाचें अशें तीर्थक्षेत्र जालां. मध्वाचार्यान कृष्णमंदिरांतल्या धर्मीक कृत्यांची जापसालदारकी आठ शिश्यांचेर सोंपयल्ली आनी तांचेखातीर ह्या भागांत आठ मठांची स्थापणूक केल्ली. त्या शिश्यांचीं आनी मटांचीं नांवां अशींः ऋषीकेशतीर्थाचो पालीमारमठ, नृसिंहतीर्थाचो अडमारमठ, जनार्दनतीर्थाचो श्रीकृष्णपुरमठ, उपेंद्रतीर्थाचो पुत्तिगेमठ,वामनतीर्थाचो शिरुरमठ, जनार्दनतीर्थाचो सोडेमठ, रामतीर्थाचो कणियूरमठ आनी अधोक्षजतीर्थाचो पेजावरमठ. उडुपी हांगाच्या मुखेल मठांशिवाय राघवेंद्रस्वामी मठ, व्यासराय मठ, उत्तरादि्र मठ, भीमनाकट्टेमठ, मूलबागलमठ, सुब्रह्मण्यमठ, मध्यवटमठ हे मट आसात. संप्रदायाचे अनुयायी चड करून कर्नाटकांतूच सांपडटात.

संप्रदायांत विष्णुच्या फाटोफाट वायुची सुवात मानल्या .हनुमान,

# About this digital edition

This e-book comes from the online library Wikisource[1]. This multilingual digital library, built by volunteers, is committed to developing a free accessible collection of publications of every kind: novels, poems, magazines, letters...

We distribute our books for free, starting from works not copyrighted or published under a free license. You are free to use our e-books for any purpose (including commercial exploitation), under the terms of the Creative Commons Attribution-ShareAlike 3.0 Unported[2] license or, at your choice, those of the GNU FDL[3].

Wikisource is constantly looking for new members. During the realization of this book, it's possible that we made some errors. You can report them at this page[4].

The following users contributed to this book:

- Linette saldanha

---

1. ↑ https://wikisource.org

2. ↑ https://www.creativecommons.org/licenses/by-sa/3.0
3. ↑ https://www.gnu.org/copyleft/fdl.html
4. ↑ https://wikisource.org/wiki/Wikisource:Scriptorium